१०.१०.२०२५    सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

कालसावन -12 october ह्या काळात जावपी आंतरराष्ट्रीय Purple festival चे उक्तावण काल मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्या महोत्सवात 45 देशातल्या सुमार 12 हजार प्रतीनीधीनी वाटो घेतला. ह्या महोत्सवात केंद्रीय समाजीक दिव्यांग आनी सशक्तीकरण मंत्री विरेंद्र कुमार, राज्यमंत्री रामदास आठवले, एकवटीत राश्ट्रांचे भारताचे अध्यक्ष shambi shark, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय दिव्यांग आनी सशक्तीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय,आयुक्त गुरूप्रसाद पावसकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. गोंयात आयोजीत जावपी purple fest ची प्रेरणा हेर राज्यानी लेगीत घेतला. दीव्यांग व्यक्तींच्या सक्षमीकरणाच्या नदरेतल्यान ह्या आंतरराष्ट्रीय purple festivalआक खुप महत्व आसा अशे ह्यावेळार केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. विरेंद्र कुमार हांणी म्हणला. purple festival देश तशेंच विदेश पांवड्यावेले दीव्यांग मळार काम करपी तज्ञानी वाटो घेतला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले.

शीक्षणीक संस्थांनी दिव्यांग विद्यार्थ्यांच्यो आडखळी जाणून घेवन तांकां आदार दिवपा खातीर दिव्यांग आयुक्त नेमपाची गरज आसा. दिव्यांगांच्या शिक्षणीक उदरगती खातीर ही गजाल गरजेची आसा, अशें स्पंदन संस्थेच्या संस्थापक नेहा त्रिवेदी हांणी सांगलें. उंचेल्या शिक्षण संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या कार्यशाळेंत ती उलयताली.

राज्यात बिरेस्तारा पर्पल महोत्सवाचें उक्तावण जालें. हे निमतान उंचेले शिक्षण

सर्वसमावेशक करपा विशीं कार्यशाळा जाली. उंचेल्या शिक्षण संचालनालयाचे संचालक भूषण सावयकार, म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य, शिक्षक परिसंवादाक हाजीर आशिल्ले. स्पंदन कन्सल्टन्सी सर्वीसेसचे नेहा त्रिवेदी, डॉ. होमियार मोबेदजी आनी पीयुश चनाना हांणी कार्यशाळेत मार्गदर्शन केले. उंचेल्या शिक्षणीक संस्थांनी व्हिलचेअर, दिव्यांग विद्यार्थ्यां खातीर बांकडे, ब्रेल लीपी तशेंच गरजेची उपकरणा आनी सुविधा आसप गरजेचें आसा. दिव्यांगां खातीर जो निधी आसा, ताचो योग्य तरेन वापर करून ह्यो सुविधा उबारपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

स्वच्छता कामगारांची भलायकी, सुरक्षा आणि सामाजिक-आर्थिक सक्षमीकरण सुनिश्चित करपाक सरकारच्या NAMASTE (नॅशनल ॲक्शन फॉर मेकॅनाइज्ड सॅनिटेशन इकोसिस्टम) येवजणेचो एक भाग म्हणून, केंद्रीय सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार हाणी काल गोयाक भेट दिली आणि स्वच्छता कामगारांक PPE किट, सुरक्षा किट आणि आयुष्मान भारत आरोग्य काडीचे वाटप केले. ह्यावेळार मंत्री डॉ. कुमार उलयताले.

बाय्ट

उदका संसाधन खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी काल साळावली धरणा संबंदीत उदका वितरणाच्या प्रस्नांचो नियाळ घेवपा खातीर भेट दिली आनी पारोडा कालव्याचीय तपासणी केली. ह्या भेटी वेळार मंत्र्यानी खात्याच्या अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा केली. साळावली धरण कमांड वाठाराक फावो ती उदका पुरवण सुनिश्चीत करपाचेर भर दिल्लो. येवपी पिकावळ हंगामांत सुमार 500 अतिरिक्त शेतकारांक फायदो जावपी उदका पुरवण करपाक सुविधा दिवपा खातीर निर्देश जारी केल्ले. तशेंच थळावी शेतकी अर्थवेवस्था घटमूट करपा खातीर पाणीवाटप संस्थे खाला

गांवांनी उण्यांत उणी पांच भाजीपाल्याच्यो जाती लागवड करपाचें लक्ष्य करून पिकांक चालना दिवपाक प्रोत्साहन दिलें.

केंद्र सरकारच्या नशामुक्ती येवजणे खाला गोंयांत नशामुक्ती केंद्रां स्थापन करपाक केंद्र राज्य सरकाराक जायती मजत करतले. केंद्र सरकारच्या धोरणा प्रमाण राज्याक सगळ्या येवजणेंचो लाव मेळटलो, अशें केंद्रीय सामाजिक न्याय खात्याचे राज्यमंत्री रामदास आठवले हांणी सांगलें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 3२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता.

ही आसा एक कळोवणी -

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.